TRANSLATED COPY

**(इंग्लीशींत टंकलिखीत केल्ल्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी अणकार)**

[2023] 3 एस. सी. आर. 1069

श्रमजीवी सहकारी गृहनिर्माण संस्था लि.

विरुद्ध

दिनेश जोशी आनी हेर.

(दिवाणी अपील क्रमांक 5328-5329/2016)

22 मार्च 2023

[**एस. रवींद्र भट आनी दिपांकर दत्ता, न्या.**]

राष्ट्रीय हरीत न्यायाधिकरण (एन.जी.टी.) अधिनेम, 2010 – कलम 19 – न्यायाधिकरणाची कार्यपद्दत आनी अधिकार – अभिनिर्धारण: एन.जी.टी. जरी दिवाणी प्रक्रिया संहितेक बांदिल्लो नासलें, तरी निसर्गीक न्यायाच्या तत्वांक बांदिल्लें आसा – पर्यावरणीय तंटे आनी कारणां थारावपाचें कर्तव्य खासा सोंपयल्लें हें न्यायीक न्यायाधिकरण आसा – प्रस्तूत प्रकरणांत, एन.जी.टी.न आपल्या निर्देशांचें स्वरूप म्हणल्यार मंदसौरांतल्या मानव निर्मीत तळें / जलसंचय, तेलिया

तालाबा लागसार रावपी वा मालकीची जमीन आशिल्ल्यांक, जांकां नगरपालिका परिशद आनी शार आनी नगर नियोजन खात्या कडल्यान मंजुरी मेळिल्ली, तांचें म्हणणें आयकून घेनासतना तांकां दोशी धरले – तशेंच, अपीलकर्ता-सोसायटीच्या बाजून आशील्या न्यायालयाच्या निवाड्यांतल्यान कळटा की, ताचे मालकीची 1.4 हॅक्टर जमीन जाचे खातीर (शेतकी ते बिगर शेतकी वापर) रुपांतरण मंजूर केल्लें, ती जमीन बुडीत क्षेत्रा सकयल गेल्ल्याच्या कारणाक लागून रद्द करपाची मागणी केल्ली – एन.जी.टी.न जप्त केल्ल्या आदल्या खटल्याचो इतिहास उक्ताडार हाडटा की, खासरा क्र. 1248ची भाग जमीन जी संस्थेचे मालकेची आसा, ती राज्य पक्षकार आशिल्ल्या खटल्यांत थेट पक्षकार आशिल्ली आनी जातूंत ती संस्था हरिल्ली – त्या हुकुमनाम्याक सगळ्या न्यायालयांनी कायम केलें – पूण, एन.जी.टी.न हे वस्तुस्थिती कडेन आडनदर केली - अशे तरेन, दिवाणी अपील क्र. 5328-29/2016 त सोसायटीन विकत घेतिल्ले जमनी संदर्भांतले हक्क, अधिकार आनी हीत-संबंद जाचे खातीर बांदकाम परवानगी दिल्या आनी ज्या संबंदांत उच्च न्यायालयान निमाणें हुकूमनाम्याक पुश्टी दिल्ली, ती कसलेच तरेन विस्कळीत जावची ना वा ताचेर प्रभाव जावचो ना – हेर सगळ्या अपिलांनी, एन.जी.टी. प्रलंबीत कार्यवाहींत समितीच्या अहवालाचो विचार केल्या उपरांत, तालाबाच्या नेमक्या शिमेच्या प्रस्नाचेर विचार करतलें - फुडले निर्देश जारी केल्यात - निसर्गीक न्यायाचीं तत्वां.

सिद्धांत/तत्वां – अंतीम तत्व – अभिनिर्धारण: पक्षकार निमाणे अंतीम तत्वा कडेन बांधील आसतात, जाचो परिणाम सक्षम न्यायालयाच्या हुकूमनाम्यांत जाता, जो अंतीम आनी बंधनकारक स्वरूप प्राप्त करता, खास करून जंय ताची सहमतीन

योग्य वेळार पुश्टी करतात आनी देशाच्या सर्वोच्च न्यायालयान कायम दवरतात – तशेंच, कायद्यांत ताचे उपरांत जाल्ले बदल, पक्षकारांक, अंतीम तत्व प्राप्त जाल्ल्या खटल्यांत, आदेशा वरवीं मेळिल्ल्या लाभा पसून वंचीत दवरूंक शकनात.

*प्रदीप कुमार मस्करा विरुद्ध पश्चीम बंगाल राज्य* **(2015) 2 एस.सी.सी. 653:** [2014] 13 **एस.सी.आर.** 540; *लेक राज विरुद्ध रणजित सिंग* **(2018) 12 एस.सी.सी. 750:** [2017] **7 एस.सी.आर.** 542; *इब्राहिमपट्टणम तालुका वेवसाय कुली संघम विरुद्ध के. सुरेश रेड्डी* **(2003) 7 एस.सी.सी. 667:** [2003] **पुरक 2 एस.सी.आर.** 698 *आंध्र प्रदेश राज्य विरुद्ध टी. यादगिरी रेड्डी* **(2008) 16 एस.सी.सी. 299:** [2008] **16 एस.सी.आर. 792**; *सुलोचना चंद्रकांत गलांडे विरुद्ध पुणे म्हानगरपालिका परिवहन* (2010) 8 **एस.सी.सी. 467:** [2010] 9 **एस.सी.आर.** 476 – **हाचेर आदारून आशिल्ले.**

**निर्णय विधी संदर्भ**

| | |
|---|---|
| [2014] **13 एस.सी.आर. 540 चेर भर दिला** | **परिच्छेद** 12 |
| [2017] **7 एस.सी.आर 542 चेर भर दिला** | **परिच्छेद** 12 |
| [2003] **पुरवणी 2 एस.सी.आर. 698 चेर भर दिला** | **परिच्छेद** 13 |
| [2008] **16 एस.सी.आर. 792 चेर भर दिला** | **परिच्छेद** 13 |
| [2010] **9 एस.सी.आर. 476 चेर भर दिला** | **परिच्छेद** 13 |

दिवाणी अपील अधिकारक्षेत्र: दिवाणी अपील क्रमांक 5328-5329/2016.

राष्ट्रीय हरीत न्यायाधिकरणाच्या 17.02.2016 दिसाच्या न्यायनिवाडो आनी आदेशा प्रमाणें, भोपाळ हांगच्या केंद्रीय विभागीय खंडपिठांतल्यान ओ.ए. 2015 च्या क्रमांक 100/2015 हातूंत तारीख 19.04.2016 च्या पुनरावलोकन अर्ज क्रमांक 03/2016 हाचे सयत.

दिवाणी अपील 2023चे क्रमांक 1877, 2021 चे 409-410, 407-408, 2370-2371 आनी 2018चे 10239.

अपीलकर्तां खातीर वकील आदवोगाद ब्रिजेंद्र चहर, ए.एन.एस. नाडकर्णी, पी.सी. सेन, श्रीमती मीनाक्षी अरोरा, वरिश्ट वकील, सुमीर सोधी, प्रणय जो सेबॅस्टियन, पुलकित अगरवाल, अजमत हयात अमानुल्ला, कु. प्रगती नीखरा, विजय असुदानी, हिमांशू शेखर त्रिपाठी, अंबुज दीक्षित, कु. अंकिता ए., चंद्रतनय चौबे.

प्रतिवाद्याचे वकील आदवोगाद – पी. व्ही. योगेश्वरन, ए.ए.जी., अंकिता चौधरी, डी.ए.जी., आकाश नंदोलिया, मृणाल गोपाल एल्कर, सनी चौधरी, निशाल अवनत, ए निशांत अवाना, यशर्थ कांत, राहुल कौशिक, अर्जुन गर्ग, गोपाल झा, राघवेंद्र शुक्ला, श्रेयश भारद्वाज, मिश्रा सौरभ, पुलकित अगरवाल, पशुपती नाथ राजदान, विकास बन्सल, आस्तिक गुप्ता, राजुल श्रीवास्तव, मोहित डी. राम, मोनिशा हांडा, अनुभव शर्मा, के. कृष्ण कुमार, पाई अमित, कोमल मुंद्रा, सौरभ अगरवाल, अभियुदय वत्स, पंखुडी भारद्वाज.

**न्यायाधीश एस. रवींद्र भट हांणी न्यायालयाचो निर्णय दिलो.**

1. खास अनुमती याचिका (फौ.) क्र. 12945/2018 ही खास अनुमती याचिका मान्य केली. ह्या सगळ्या याचिकांनी सगळ्या प्रतिवाद्यांक नोटिशो धाडल्यो आनी ते हाजीर जाले. मूळ अर्जदाराक राष्ट्रीय हरीत न्यायाधिकरणा मुखार (हे फुडें 'एन.जी.टी.') लेगीत हाजीर केले. तांचे वतीन प्रतिज्ञापत्र दाखल केलें. पूण, सुनावणेच्या दिसा तांचें प्रतिनिधित्व करूंक ना. पक्षांच्या वकिलांचे आदवोगादांचे संमतीन, सगळ्या याचिकांचेर निमाणी सुनावणी जाली.

2. राष्ट्रीय हरीत न्यायाधिकरण अधिनेम 2010च्या 22 कलमा खाला (हे फुडें 'एन.जी.टी. अधिनेम') आनी खास परवानगी (मध्य प्रदेश उच्च न्यायालयाच्या डब्ल्यू. पी. क्र. 3484/2018 (पी.आय.एल.) हातूंतली 10.7.2018 तारखेच्या आदेशा विरोधांत) वरवीं केल्ले अपिलांत, राष्ट्रीय हरीत न्यायाधिकरणाच्या विवीध आदेशांचेर प्रस्नचिन्न उपस्थीत केल्ले, (मूळ अर्ज क्र. 100/2015 हातूंत तारीख 17.02.2016 पुनरिक्षण अर्ज क्र. 3/2016 हातूंत तारीख 19.04.2016; मूळ अर्ज क्र. 17/2018 हातूंत तारीख 21.09.2020 पुनरिक्षण अर्ज क्रमांक 8 आनी 9/2020 आनी तारीख 18.11.2020 आनी किरकोळ अर्ज क्रमांक 9, 11 आनी 14/2020 हातूंत तारीख 25.11.2020 आदेश) जातूंत मंदसौर शारांतलें मानव निर्मीत तळें वा जलाशय आशिल्ल्या 'तेलिया तालाब' च्या (तळें) (हे फुडें 'तालाब' म्हणून उल्लेखीत) परिसरांत मालमत्ता विकसीत करूंक आनी बांदूंक मंजुरी दिवंक मंदसौरचे नगरपालिका परिशदेन (हे फुडें 'परिशद' म्हणून उल्लेखीत) टाळाटाळ करची, अशे निर्देश दिल्ले.

3. मूळ अर्जदार, दिनेश जोशी हांणी एन.जी.टी. च्या केंद्रीय खंडपिठा मुखार अर्ज दाखल केलो, जातूंत तळ्याच्या संरक्षणा आनी संवर्धना खातीर निर्देश मागिल्ले,

असो आरोप केला की प्राधिकरणान म्हणल्यार परिशदेन आनी राज्यान, विवीध खासगी पक्षांक बांदकाम परवानगी दिल्या आनी जलाशयाचेर बांदकाम करूंक परवानगी दिल्या, परिणामी तळ्याचें क्षेत्र कमी जालां आनी ताका लागून पृश्ठ भागाचेर उदकाची उपलब्धताय कमी जाल्या. प्रक्रिया करूंक नाशिल्लो घरगुती कोयर आनी उद्देगीक सांडपाणी तळ्यांत सोडटात वा उडयतात असो आरोप लेगीत केला. नोटीस दिल्या उपरांत शार आनी नगर नियोजन खात्यान (ह्या फुडें ‘टी.सी.डी.’) जाप दाखल केली.

4. एन.जी.टीन आपल्या तारीख 17.02.2016 च्या आदेशा वरवीं (ह्या फुडें ‘मुख्य आदेश’ म्हणून संदर्भीत) परिशदेचे जापेची तशेंच टी.सी.डी.च्या आनी ‘महसुलाचो अनुरेखन नकासो’ हाचेर अवलंबून रावन अशें म्हणलें की, ‘कमाल जलमार्ग’ (ह्या फुडें ‘एम. डब्ल्यू. एल.’ म्हणून उल्लेखीत) दर्शयल्ले आनी ती जमीन म्हणल्यार खासरा क्र. 1238, ‘पूर्ण जलमार्ग’ (ह्या फुडें ‘एफ. डब्ल्यू. एल.’ म्हणून उल्लेखीत) तशेंच एम. डब्ल्यू. एल. च्या खाला येता, जे जमनीचेर बांदकामाक परवानगी दिल्ली. अशें दिसून आयलें की जरी उदक कमाल पातळी मेरेन पावोवंक दिलें जाल्यार जमनी बुडटल्यो, कारण एन.जी.टी प्रमाणें त्यो बुडीत क्षेत्रांत येता.

5. अपीलकर्तान (खास परवानगी वरवीं केल्ल्या अपिलांतलो अपीलकर्ता वगळावन) फेरविचार याचिका दाखल केल्यात, जातूंत तांणी परिशदेन खूब आदीं परवानगी दिल्ली हे वस्तुस्थिती कडेन लक्ष ओडलें आनी एन.जी.टी च्या लक्षांत हाडून दिलें की, शेवटाक 2003 वर्सा विकास आराखडो मंजूर केल्लो, जाच्या संदर्भांत तालाबाक तेंकून एक हरीत क्षेत्र आशिल्लें, जाचे पलतडीं एक भौशीक रस्तो मंजूर करून बांदिल्लो आनी फुडें तांच्यो जमनी ह्यो रस्त्याचे पलतडीं आशिल्ल्यो. हे

परिस्थितींत एन.जी.टीन आपल्या आदेशाचें पुनरिक्षण करचें, कारण मुख्य आदेश दिवचे पयलीं तांची सुनावणी जावंक नासली, असो युक्तीवाद केलो.

6. दिवाणी अपील क्र. 5328-29/2016 (ह्या फुडें 'सोसायटी' म्हणून उल्लेखीत) हातूंतल्या अपीलकर्तान ह्या व्यतिरिक्त विनंती केल्या की ताचे मालकीच्यो जमनी तांकां  खूब आदीं दिल्ल्यो आसतल्यो आनी तांचो वापर तांच्या वांगड्यांनी (जे कामगार आशिल्ले, समाजांतल्या गरीब घटकां कडेन संबंदीत आसात) निवासी युनिटांच्या बांदकामा खातीर केला आसुंये, हो आदल्या खटल्याचो विशय जाल्लो, जे वरवीं राज्य अधिकाऱ्यांनी जमीन बुडीत क्षेत्रा खाला आयल्या ह्या कारणा वयल्यान रुपांतरण प्रमाणपत्र रद्द केलें. सोसायटीन खटलो दाखल केलो, जाचो निकाल न्यायचवकशी न्यायालयान (दिवाणी दावो क्रमांक 524 ए/88 हातूंतल्या मंदसौर हांगच्या प्रथम श्रेणीच्या दिवाणी न्यायाधिशान दिल्ल्या 24.12.1994 तारखेच्या आदेशा प्रमाणें) दिला; राज्याची याचिका (आर. सी. ए. क्रमांक 80 ए/2001 हातूंतल्या अतिरिक्त जिल्लो न्यायाधिशान दिल्ल्या 18.05.2001 तारखेच्या आदेशा प्रमाणें) भायर मारली आनी मध्य प्रदेश उच्च न्यायालयांतले ताचे दुसरे याचिकेचें लेगीत तेंच फलीत जालें, म्हणल्यार (मध्य प्रदेश उच्च न्यायालयाच्या दिनांक 23.06.2011च्या आदेशा प्रमाणें दुसरी अपील क्रमांक 415/2001) भायर मारली. राज्यान दाखल केल्ली खास अनुमती याचिका लेगीत ह्या न्यायालयान भायर मारली (खास अनुमती याचिका (सीसी) क्रमांक 2066/2016 ए हातूंत तारीख 08.02.2016च्या आदेशा प्रमाणें), हें दाखोवन दिलें.

7. पूण एन.जी.टीन आक्षेपीत आदेशा वरवीं तांच्या मुखार आशिल्ल्यो सगळ्यो फेरविचार याचिका भायर मारल्यो. कांय निवेदनां आनी पत्रांच्या आदाराचेर,

जिल्लोधिकारी, जिल्लो मंदसौर हांणी तालाबाचे शिमे कडेन संबंदीत तपास आनी नवो अहवाल सादर करपाच्या उद्देशान महसूल विभागाच्या सात अधिकाऱ्यांची एक समिती स्थापन केली. प्राप्त अहवालाच्या आदाराचेर, जिल्लोधिकाऱ्यान 06.06.2017 दिसा आदेश जारी केलो. त्या आदेशाचो म्हत्वाचो भौतीक भाग सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसा:

“वयर उल्लेखीत तपास पथकान भूंय अभिलेख जिल्लो मंदसौर पत्र क्रमांक 1316/एम.पी./2016 तारीख 18-05-2016 वरवीं सिमांकन केलें आनी 21 अधिकारी/कर्मचाऱ्यांचो आसपाव आशिल्ल्या पथका कडल्यान 04-06-2016 आनी 06-06-2016 पंचिंग, अहवाल आनी नकासो सादर केलो. पंचनामो आनी अहवाला प्रमाणें आनी काबा मंदसौर हांगच्या तेलिया तालाबाच्या एम. डब्ल्यू. एल. संदर्भांत अर्जदारा कडेन संबंदीत अर्जांत नमूद केल्लीं तथ्यां स्पश्ट करूंक / त्रुटी पयस करूंक सिमांकन पथकान तेलिया तालाबाच्या एम. डब्ल्यू. एल. मर्यादा नगरपालिका परिशद आनी उदका स्रोत कर्मचाऱ्यांनी ते जागे अधिसुचीत केलें आनी कायम स्वरुपी शीम चिन्नां स्थापीत केलीं, जीं नकाशांत पाचवे शायीन नमूद केल्यांत. एम. डब्ल्यू. एल. च्या चिन्नां उपरांत वसाहती उदका पोंदच्या भागांत नात. नकाशांतले पाचवे शायीचेर नमूद केल्ले सर्वेक्षण क्रमांक एम. डब्ल्यू. एल. हे मर्यादे पलतडीं वळखतात. एम. डब्ल्यू. एल. चिन्नां चिन्नांकीत केल्या उपरांत, बांदकामाची परवानगी दिवं येता. हांवें ह्या प्रकरणाचो तपास केला आनी ह्या न्यायालयान स्थापन केल्ले समितीन सादर केल्ल्या वयर उल्लेखीत तपास अहवाल, पंचनामो आनी नकासो हांचो बारीकसाणेन अभ्यास केला. तपास पथकाच्या अहवालाक आनी मंदसौर विकास योजना 2001 प्रमाणें एम. डब्ल्यू. एल. हाका संमती मेळिल्ल्यान (एम.आय.सी. समाधानी) (कमाल उदक पातळी) तपास पथकाच्या अहवालांत

पाचवे शार्यींत आनी तेलिया तालाबाच्या एम. डब्ल्यू. एल. मर्यादेच्या सिमांकन नकाशांत नमूद केल्लीं मर्यादा चिन्नां, चिन्नाच्या भायर आशिल्ल्या वसाहतींक बांदकाम परवानगी दिवं येता. हो नकासो ह्या क्रमाचो एक भाग आसतलो."

8. जिल्लोधिकाऱ्यान सादर केल्लो अहवाल आनी तांणी दिल्लो आदेश हो एन.जी.टी. मुखार वादाचो विशय जालो. जलमग्न क्षेत्र आनी एम. डब्ल्यू. एल. चे दुरुस्तीचेर आक्षेप घेवपी अर्ज (क्र. 17/2018) अर्जदारान दाखल केल्लो, जांणी आदलो मूळ अर्ज क्र. 100/2015 दाखयल्लो. एन.जी.टीन उदकांतल्या भागांत आनी तालाबाच्या एम. डब्ल्यू. एल. आनी एफ. डब्ल्यू. एल. चे मर्यादेंत कसल्याच बांदकामाचेर बंदी घालूंक ना अशी अर्जदाराची तक्रार आसली. ते उपरांत तयार केल्ल्या आनी 06.06.2017 हे तारखेच्या जिल्लोधिकारी आदेशा वरवीं नोंद केल्लो नकासो टिकूंक पावलो ना, असो युक्तीवाद केलो. तालाबाचे शिमेंत बदल करप तांच्या अधिकारक्षेत्रांत येना, अशें मध्य प्रदेश प्रदुशण नियंत्रण मंडळान आपले जापेंत म्हणलें. मंडळान, जल (प्रदुशण प्रतिबंद आनी नियंत्रण) अधिनेम 1974 (ह्या फुडें 'जल अधिनेम' म्हणून उल्लेखीत) हाच्या तरतुदींचें पालन करूंक वेळवार परिशदेक नोटीस धाडल्या अशें नमूद केलें. हें एन.जी.टीन आपल्या आदेशांत नोंद केलां. जिल्लोधिकाऱ्याच्या पथकान ह्या परिसराची तपासणी केल्ली आनी तालाबाच्या 3 किलो मिटरा भितर 10 वसाहती अस्तित्वांत आसात आनी तालाबांत प्रक्रिया जावंक नाशिल्लें सांडपाणी सोडटात अशें तांकां दिसून आयलें, अशें फुडें नोंद केलें. एन.जी.टीन आपल्या 21.09.2020 दिसाच्या आदेशा वरवीं (हाचे उपरांत 'दुसरो आदेश' म्हणून उल्लेखीत) राज्य, परिशद आनी जिल्लो महसूल अधिकाऱ्यांक

कडकपणान शिटकायले आनी उदका सांठो आनी आदीं उदका सांठो आशिल्ल्या क्षेत्राचें सिमांकन करूंक तत्काळ फुडें वचपाचे निर्देश दिले, जाका लागून तो खंयच्याच प्रकारान कमी जावचो ना. उदकां स्रोताच्या क्षेत्राचें सिमांकन करिनासतना आनी एम. डब्ल्यू. एल. मेरेन बांदकामा खातीर परवानगी दिवपा सयत एन.जी.टीन बंदी घातली. पुराय खसरा क्रमांक 1238 चें संरक्षण करप आनी जलाशयांत बाधा हाडप ना, अशें तांणी फुडें निर्देश दिले.

**पक्षकारांच्या वकिलांचे युक्तीवाद**

9. सोसायटी खातीर उपस्थीत आशिल्ली विद्वान वरिश्ठ वकील, श्रीमती मीनाक्षी अरोरा, हांणी युक्तीवाद केलो की, एन. जी. टी. चे अस्पश्ट आदेश दोन गजालींचेर चुकीचे आसात. पयली गजाल म्हणल्यार, खसरा क्र. 1238 चे भाग सोसायटीन चार दसकां पयलीं कमी पगाराचेर काम करपी वांगड्यांच्या कश्टान कमयिल्ल्या पयशांनी खरेदी केल्ले, हे वस्तुस्थितीचेर विचार करूंक ना वा वेव्हार करूंक ना. तांकां दिल्लें रुपांतरण प्रमाणपत्र, ती जमीन उदकाच्या क्षेत्रांत (*डूबक्षेत्र*) आशिल्ल्याच्या कारणा वयल्यान रद्द केल्लें, तेन्ना तांकां अडेच दसकां परसूय चड काळ खटल्याचो सामनो करचो पडिल्लो. सोसायटीक, कायम स्वरुपी मनाय आदेशा खातीर खटलो दाखल करचो पडलो, जंय राज्याक पक्षकार केलो; राज्य आपल्या शिंपणावळ विभागाच्या अभियंत्याचे साक्षीचेर अवलंबून आशिल्लें, जाणें आपले भुमिकेचो पुनरुच्चार केलो. तरीय, जमीन बुडीत क्षेत्रांत आयली ह्या राज्याच्या युक्तीवादाच्या समर्थनार्थ तो कसलेच दस्तावेज वा सामुग्री सादर करूंक शकलो ना. राज्याची याचिका भायर मारली; पयल्या अपिलीय न्यायालयान राज्याची भुमिका

नोंद करून घेतली, जी विरोधाभासी आशिल्ली, म्हणल्यार, जमनी उदका सकयल्ल्या भागांत आशिल्ल्यो आनी त्याच वेळार, कांय बांदकामां खातीर त्यो गरजेच्यो आशिल्ल्यो. राज्याची दुसरी याचिका आनी खास परवानगी याचिका लेगीत भायर मारली.

10. श्रीमती अरोरा हांणी, तांच्या निवेदनाचो दुसरो भाग म्हणून, न्यायनिवाड्याच्या निमण्या टप्प्याचो आनी न्यायनिवाड्याचो सिद्धांत *"रेस जुडीकटा"* ह्या खटल्यांच्या तथ्यांक लागू जावचो अशें आवाहन केलें. ह्या तत्वाची म्हत्वपूर्ण भुमिका आसा, कारण तें भौशीक धोरणाच्या ठोस तत्वाचेर आदारून आसा. कायद्याच्या विधी-आभासा खाला आनी निमतान अनावश्यक खटलो आडावपाच्या उद्देशान निमण्या टप्प्याचो सिद्धांत विकसीत जालो. हें लोकांच्या हिताच्या दृश्टीन, खटल्यांचो अंत लेगीत निश्चीत करता. राज्य आनी ताच्यो सगळ्यो संस्था न्यायालयांच्या आदेशाक बांदील आशिल्ल्यो, जाची ह्या न्यायालया कडेन पुश्टी जाल्ली. खास परवानगी याचिका भायर मारपाच्या आदेशांत उच्च न्यायालयाचो निर्णय न्याय्य आशिल्लो, अशें विद्वान वकिलान सांगिल्लें.

11. श्री. ए. एन. एस. नाडकर्णी आनी श्री. पी. सी. सेन, विद्वान वरिश्ठ वकील, श्री. सुमीर सोधी, कुमारी प्रगती नीखरा, श्री. अमीत पै, आनी हेर वकील, हेर अपीलकर्त्यांचे बाजून आशिल्ले. विद्वान वरिश्ठ वकील श्री. ब्रिजेंद्र चहर आनी मध्य प्रदेशाचे विद्वान अतिरिक्त एडव्होकेट जनरल (ए.ए.जी.) श्री. योगेश्वरन, हे अनुक्रमान टी.सी.डी. आनी परिशदेचे बाजून आशिल्ले; आनी श्री. सौरभ मिश्रा, ए.ए.जी., मध्य प्रदेश राज्याचे बाजून आशिल्ले. तांणी सोसायटी मार्फत निवेदनाचें समर्थन केलें आनी आग्रो केलो, टी.सी.डीन 2001 त विकास/ मास्टर प्लान प्रकाशीत

केल्लो, जाका शेवटाक 12. 05. 2003 दिसा मंजुरी दिल्ली, हें मतींत घेवंक ना, ही एन. जी. टी. ची गंभीर चूक जाल्ली. हो मंदसौरच्या विकासाचो आदार आसा. *तालाबाचें* अस्तित्व, ताच्यो शिमो आनी ताच्या बुडीत क्षेत्राचे व्याप्तीची माहिती करून दिली. *तालाबाक* लागुनूच पाचवें क्षेत्र निश्चीत केल्ल्या आनी जाचे उपरांत रस्त्याक परवानगी दिल्ल्या आराखड्याक कोणेंच आक्षेप घेवंक ना. ह्या रस्त्याचे दुसरे वटेन निवासस्थानां आनी वसाहतींचो विकास जाल्लो. ही वस्तुस्थिती सर्वसामान्यांक खबर आशिल्ली. हे फाटभुंयेर, एन.जी.टी. मुखार आयिल्ल्या अर्जदारान, निमाणें स्वरूप प्राप्त जावंक नाशिल्ल्या "ट्रेस" (अनुरेखन) नकाशाचेर आदारीत आदेश जारी करूंक राजी केलो.

12. मंदसौरचे उप-विभागीय अधिकारी, परिशद आनी उदकां स्रोत विभाग तशेंच जिल्लोधिकारी हांचे मदीं बरोच आंतर-विभागीय पत्र वेव्हार जाले उपरांत, शेवटाक उपविभागीय अधिकाऱ्यान 31.01.2022 दिसा जिल्लोधिकाऱ्याक पत्र बरयलें, जातूंत एन.जी.टी क नकासो दाखयल्लो, जाच्या आदारान तांणी आपले आदेश दिल्ले अशें विद्वान वकिलान सांगलें.

> "*मुळांत नकासो नाशिल्लो, तेलिया तालाबाच्या एफ. टी. एल. त एक फूट वाड करपाची आसली जाल्यार किदें स्थिती आसतली हें दाखोवपी प्रस्तावीत नकासो आनी जाचेर फकत उदकां स्रोत विभागाचे उपविभागीय अधिकारी श्री. एल. एन. बडगोटिया हाची सय आशिल्ली. ह्या नकाशाचेर खंयच्याच अधिकृत महसूल अधिकाऱ्याच्यो सयो नाशिल्ल्यो. संतोष राठोड हाणें तांच्या विनंती पत्रा सयत सादर केल्लो नकासो दोन पानांचो आशिल्लो आनी तातूंत*

*उदका खाला आशिल्ल्या सगळ्या प्रकारचे जमनीचें वर्णन आशिल्लें आनी तो 03.07.2021 त तेदे वेळच्या जिल्लोधिकाऱ्या मुखार सादर केल्लो आनी वास्तवीक वर्णन तेदे वेळच्या जिल्लोधिकाऱ्या मुखार सादर केल्लें. तेदे वेळच्या जिल्लोधिकाऱ्यान हो मुद्दो चर्चे खातीर दवरलो पूण, ताची बदली जाली आनी ताका लागून, चर्चा जावंक पावली ना.*

*नगरपालिका मुख्य अधिकारी, नगरपालिका मंदसौर आनी उदकां स्रोत विभाग हांचे भितर जाल्ल्या वेग-वेगळ्या संवादांच्या आदारान, अशें स्पश्ट जाता, नगरपालिका परिशदेन मानादीक राष्ट्रीय हरीत न्यायाधिकरणा मुखार (एन. जी. टी.) सादर केल्लो नकासो उदकां स्रोत विभागाचे उपविभागीय अधिकारी श्री. एल. एन. बडगोटिया हांचो मूळ नकासो नासून फकत 2002 त धरणाची उंची एक फूट वाडोवपाच्या प्रस्तावाचें वर्णन आसा. उदकां स्रोत विभागान 30.07.2021 दिसा म्हाका सादर केल्ल्या नकाशाचेर उप-अभियंतो, उदका स्रोत विभाग, तहसीलदार, महसूल निरिक्षक आनी हलका पटवारी हांची सय आसा आनी ह्या नकाशाचेर एफ. टी. एल. आनी एम. डब्ल्यू. एल. खाला येवपी सगळ्या क्षेत्रांचें स्पश्ट वर्णन लेगीत आसा आनी ताका लागून हो मूळ नकासो आसा."*

13. एन. जी. टी क सादर केल्ल्या नकाशा कडेन संबंदीत वेग-वेगळे अधिकारी आनी संस्थांतल्या संबंदीत पत्र वेव्हार आनी ताची अचूकताय, तशेंच ताचेर जारी

केल्ल्यो सुचोवण्यो, परिशदेच्या मुख्य अधिकाऱ्यान सोपूत घेतिल्ल्या 01.11.2022 तारखेच्या प्रतिज्ञापत्रा वरवीं नोंद केल्ल्यो आसात, अशें नमूद केलां.

14. *तेलिया तालाबाच्या* शिमां विशींचो होच मुद्दो परत एन. जी. टी. मुखार आनीक एका खटल्याचो विशय आसा (म्हणल्यार अभय कुमार अकोलकर विरुद्ध मध्य प्रदेश राज्य, मूळ अर्ज क्र. 70 / 2022 ) जातूंत न्यायाधिकरण सद्याच्या अपिलांची दखल घेता अशें विद्वान वकिलांनी म्हणलां.

15. प्रतिवाद करपी प्रतिवादी (एन. जी. टी. मुखारच्या मूळ अर्जांतले अर्जदार) म्हणल्यार श्री. दिनेश जोशी आनी श्री. आलोक शर्मा हांचे बाजून सुनावणीच्या वेळार प्रतिनिधित्व जावंक नाशिल्लें. पूण, तांणी कांय अपिलांक जापो आनी प्रती प्रतिज्ञापत्रां दाखल केल्लीं. एन. जी. टी चे आदेश हस्तक्षेपाची मागणी करिनात अशी तांची सातत्यपूर्ण भुमिका आसा. एन. जी. टी. चेर अवलंबून आशिल्लो 1973 -74 चो नकासो परिशदेन पुरवण केल्लो, जो आतां आपले भुमिके पासून फाटीं सरूंक शकना असो तांचो आग्रो आसा. अशेंय म्हणलां, विकास आराखड्याचें अस्तित्व ही नोंदणेची विशय-वस्तू आशिल्ली आनी एन. जी. टी क ताची खबर आशिल्ली. ते भायर, प्रक्रिया करूंक नाशिल्लो कचरो तालाबांत उडयतात हें परिशदेन न्हयकारूंक ना, हाचे कडेनूय लक्ष ओडून घेतलां.

**विश्लेशण आनी निश्कर्श**

16. एन. जी. टी. च्या मुख्य आदेशाचें सादें वाचन केल्यार अशें दिसून येता, तें याचिके प्रमाणें गेलें आनी ताचे मुखार सादर केल्ल्या ट्रेस नकाशाच्या आदारान आदेश पारीत करूंक फुडें गेलें. जाचे खातीर ताका मंजुरी दिल्या त्या *तालाबाच्या* भोंवतणच्या विकासांत अर्जदाराक आडमेळीं हाडपाचीं आसात, हें एन. जी. टी. क

खबर आशिल्लें. तरी लेगीत, ताचे कडेन आयिल्ल्या पक्षां कडल्यान तपशील मागपाची आनी ताच्या आदेशांक लागून खंयच्याय पक्षांचेर परिणाम जावपाची शक्यताय आसा काय ना हें तपासपाची ताका गरज दिसूंक ना. निसर्गीक न्यायाच्या तत्वांनी बांदिल्लें न्यायीक न्यायाधिकरण म्हणून, ताणें खटलो लांबणेर आशिल्ल्यान हस्तक्षेप करूंक जाय आशिल्लो वा निदान भौशीक कळोवणी जारी करूंक जाय आशिल्ली आनी जांचेर विपरीत परिणाम जावपाची शक्यताय आसा तांच्या हस्तक्षेपाची मागणी करूंक जाय आशिल्ली. हें पावल उखलपांत ताणें केल्ल्या दुर्लक्षाक लागून, जांकां तांचे मालकीचे, खरेदी केल्ले वा विकसीत केल्ले जमनीचेर विकास वा बांदकामाची मंजुरी, त्वरीत मर्यादे भायर गेल्ल्यान, तीव्र आनी गंभीर परिणामांक तोंड दिवचें पडलें अशा, ह्या न्यायालया मुखार आयिल्ल्या सगळ्या अपीलकर्त्यां भितर पुर्वग्रह निर्माण जालो.

17. एन. जी. टी. अधिनेमाच्या कलम 19 त सकयल दिल्ल्या प्रमाणें तरतूद आसाः

> “*19. न्यायाधिकरणाची कार्यपद्दत आनी अधिकार – (1) न्यायाधिकरण दिवाणी प्रक्रिया संहिता, 1908 (1908 चो 5) वरवीं निर्धारीत केल्ले कार्यपद्दतीक बांदील नासतलें पूण, निसर्गीक न्यायाच्या तत्वां वरवीं मार्गदर्शीत आसतलें.*
>
> *(2) ह्या अधिनेमाच्या तरतुदींचे अधीन रावन, न्यायाधिकरणाक स्वताचे प्रक्रियेचें नियमन करपाचो अधिकार आसतलो.*
>
> *(3) न्यायाधिकरण भारतीय पुरावो अधिनेम, 1872 (1872 चो 1) त आसपावीत आशिल्ल्या पुराव्यांच्या नेमांक लेगीत बांदील आसचें ना.*

(4) न्यायाधिकरणाक, ह्या अधिनेमा खाला आपलीं कार्यां निभावपाच्या उद्देशान, दिवाणी प्रक्रिया संहिता, 1908 (1908 चो 5) खाला दिवाणी न्यायालयाक दिल्ल्या अधिकारा प्रमाणें समान अधिकार आसतले, जे सकयल दिल्ल्या गजालींच्या संदर्भांत खटलो चलयतना आसतले, ते म्हणल्यार –

(क) खंयचेय व्यक्तीक आपोवप आनी ताचे उपस्थितींत अंमलबजावणी करप आनी सोपूत घेवन ताची तपासणी करप;

(ख) दस्तावेजांचो सोद घेवप आनी सादर करूंक लावप;

(ग) प्रतिज्ञापत्रांचेर पुरावो प्राप्त करप;

(घ) भारतीय पुरावो अधिनेम, 1872 (1872 चो 1) च्या कलम 123 आनी 124 च्या तरतदींचे अधीन रावन, खंयचेय भौशीक नोंदीची वा दस्तावेजाची वा अशे नोंदीची वा दस्तावेजाची प्रत खंयच्याय कार्यालयांतल्यान मागोवप;

(च) साक्षिदारांच्या वा कागदपत्रांचे तपासणी खातीर आयोगपत्र जारी करप;

(छ) ताच्या निर्णयाचेर फेरविचार करप;

(ज) चुकी खातीर अर्ज भायर मारप वा एकतर्फी निर्णय घेवप;

(झ) चुकी खातीर खंयचोय अर्ज भायर मारपाचो खंयचोय आदेश वा ताणें एकतर्फी दिल्लो खंयचोय आदेश कुशीक दवरप;

*(ट) ह्या अधिनेमा खाला दाखल केल्ल्या खंयच्याय अर्जाचेर वा अपिलाचेर संबंदीत पक्षांक सुनावणेची संद दिले उपरांत अंतरीम आदेश (मनाय आदेश वा स्थगिती सयत) पारीत करप;*

*(ठ) अनुसुची 1 हातूंत निर्दिश्ठ केल्ल्या खंयच्याय अधिनेमाचें खंयचेंय उल्लंघन करप वा ताचें कारण जावपा सावन खंयचेय व्यक्तीक आडावपा खातीर वा परावृत्त करपा खातीर आवश्यक आशिल्ले आदेश पारीत करप;*

*(ड) विहीत करूंक शकता अशी खंयचीय हेर गजाल;*

*(5) न्यायाधिकरणा मुखा वयल्यो सगळ्यो कार्यवाही भारतीय दंड संहितेच्या (1860 चो 45) कलम 196 च्या उद्देशां खातीर कलम 193, 211 आनी 228 च्या खाला न्यायीक कार्यवाही मानतले आनी न्यायाधिकरण फौजदारी प्रक्रिया संहिता, 1973 (1974 चो 2) च्या कलम 195 आनी अध्याय XXVI च्या उद्देशां खातीर दिवाणी न्यायालय मानतले.*

18. एन.जी. टी. नागरी प्रक्रिया संहिते कडेन बांदील नासलें तरी तें निसर्गीक न्यायाच्या तत्वांक बांदील आसा, हें कलम 19 चें सादें वाचन स्पश्ट करता. तें एक न्यायीक न्यायाधिकरण आसा, जाचेर फकत पर्यावरणीय विवाद आनी कारण थारावचें कर्तव्य सोंपयलां; ताच्या नियंत्रणांत व्यापक अधिकारांचो आसपाव आसा.

हे परिस्थितींत, एन. जी. टी. न हें लक्षांत दवरूंक जाय आशिल्लें, तांच्या निर्देशांच्या स्वरुपाचो अर्थ, परिशद आनी टी. डी. सी कडल्यान मंजुरी मेळयिल्ल्या, तालाबाच्या

लागसार रावपी वा जांचे मालकीची जमीन आसा, अशा सगळ्यांचें म्हणणें आयकून घेनासतना तांचेर आरोप दवरिल्लो.

19. दुसरी गजाल म्हणल्यार, फेरविचार कार्यवाहींत, जेन्ना कांय अपीलकर्त्यांनी एन.जी.टी. कडेन संपर्क सादलो, तेन्ना त्यो फेरविचार याचिका थोड्या भितर न्हयकारल्यो. परतून, हे आदेश टिकोवून दवरूंक मेळनात, कारण जे विकास येवजणेन वादग्रस्त वाठारांचे उदरगतीक परवानगी दिल्ली, तिच्या अस्तित्वा खातीर खंयच्याच विचाराचो वापर उघड करिनात; पुनरावलोकनांतले आदेश, सोसायटीच्या भूय खंडा विशीं, जाचेर आदलो खटलो लडयल्लो, जाचो शेवट राज्या आड आदेशांत जाल्लो ते विशिश्ट परिस्थितीची जायरात वा वेव्हार करिनात. परिशदेन ह्या न्यायालया मुखार पयलीं दवरिल्लो, आनी एन.जी.टी. न विचार केल्लो नकासो हो फकत तालाबाचो वाठार वाडोवपाचो मसुदो वा प्रस्ताव आशिल्लो हे आपले भुमिकेक तेंको दिवन स्पश्टपणान गवाय दिल्या, आनी जाय तीं कागदपत्रां सादर केल्यांत.

20. पक्षकार निमणेपणाच्या तत्वाक बांदिल्ले आसात, जाका लागून सक्षम न्यायालय हुकूम काडटा, जो निमाणें आनी बंधनकारक स्वरूप प्राप्त करता, खास करून जंय ताची एकाच वेळार खात्री जाता आनी देशाच्या सर्वोच्च न्यायालयान ती कायम दवरल्या. *प्रदीपकुमार मस्करा विरुद्ध अस्तंत बंगाल राज्य* हातूंत ही बाजू सकयल दिल्ल्या उतरांनी सांगल्या:

> *"24. सामके सुरवेक, आमचें मत अशें आसा की, अपीलकर्त्यांनी दाखल केल्ले रीट याचिकेंत कलकत्ता उच्च न्यायालयान दिल्ल्या निर्णया कडेन असहमत जावपाचो अधिकार न्यायाधिकरणाक ना.*

*गंगा धर सिंग प्रकरणांत निवाड्याक पाळो दितना लवादान फुडें गंभीर चूक केली [गंगा धर सिंग वि. स्टेट ऑफ डब्ल्यू. बी., (1997) 2 सी. एच. एन 140] ती म्हणल्यार, तिका कलकत्ता उच्च न्यायालयाच्या खंडपिठाचो निवाडो मानलो, खरें म्हणल्यार गंगा धर सिंग प्रकरणांतलो निर्णय [गंगा धर सिंग वि. पश्चीम बंगाल राज्य डब्ल्यू. बी. राज्य, (1997) 2 सी. एच. एन 140] उच्च न्यायालयाच्या एकल न्यायाधिशान थारायिल्लो. तशेंच 1984 त दाखल केल्ले अपीलकर्त्याचे रीट याचिकेंत [प्रदीप कुमार मस्कारा वि. पश्चीम बंगाल राज्य, नागरी पुनरिक्षण क्रमांक 3465 (डब्ल्यू) 1984, जाचेर 8-11-1992 (कलकत्ता) दिसा निर्णय घेतिल्लो, त्या निर्णयाचो लेगीत विचार केलो ना वा ताका वेगळो केलो ना.*

*25. हे वस्तुस्थितीचे फाटभुंयेर, आमच्या विचारांत घेतिल्ल्या मतान, अपीलकर्त्यांच्या प्रकरणांत कलकत्ता उच्च न्यायालयान दिल्लो निवाडो आनी वयलो निर्णय उच्च न्यायालयाच्या व्हडल्या खंडपिठान वा ह्या न्यायालयान रद्द केलो ना वा कुशीक दवरूंक ना, तेन्ना न्याधिकरणान उच्च न्यायालयाच्या आदेशाक पाळो दिवपाक न्हयकार दिवपाचो न्हय.*

*26. कायद्याच्या प्रस्ना वयलो निर्णय जरी फाटीं घेतला वा हेर खंयच्याय प्रकरणांत वरिश्ठ न्यायालयाच्या उपरांतच्या निर्णयान तातूंत बदल केल्लो आसत, तरी फकत एकल न्यायाधिशाच्या उपरांतच्या निवाड्यान विपरीत मत घेतलें म्हूण अशा निवाड्याचेर फेरविचार करपाचें कारण थारचें ना, हें बरे तरेन थारायलां. ताका लागून*

*अपीलकर्त्यांच्या प्रकरणांत दिल्लो उच्च न्यायालयाचो निवाडो आनी निर्देश हांचे कडेन आडनदर करपाचो अधिकार न्याधिकरणाक मेळना".*

21. ह्या न्यायालयान *लेख राज वि. रणजीत सिंग* हातूंत असोय निवाडो दिला की, उपरांतच्या कायद्यांत जाल्ल्या बदलांक लागून, निमणेपण मेळिल्ल्या खटल्यांत पक्षांक मेळिल्ल्या फायद्या सावन ते एका आदेशा वरवीं वेगळे करूंक मेळना:

> *"21. जरी पक्षांचे हक्क पयलींच स्पश्ट केल्ले आसत जाल्यार, आमच्या मतान, कायद्यांतल्या त्या उपरांतच्या बदलांक लागून अशे हक्क काडून घेवचे नात जे अशा बदलाच्या पयलीं पक्षां मदीं सोंपिल्ल्यान निमणेपण मेळयिल्ले आशिल्ले."*

22. ह्या प्रकरणांतले वस्तुस्थिती कडेन संबंदीत आशिल्ल्या आनीक एका निवाड्यांत, ज्या आदेशांक निमणेपण मेळयल्लें आनी जे खासगी पक्षांच्या बाजून आशिल्ले, तांचो परिणाम रद्द करपा खातीर राज्यान आपल्या पुनरिक्षणात्मक अधिकाराचो वापर केलो. न्यायालयान आंध्र प्रदेश (तेलंगणा वाठार) भाडेकरू आनी शेतकी जमीन अधिनेम, 1950 च्या तरतुदींचो विचार केला, अशे तरेची कारवाय, इब्राहीमपट्टणम तालुको कुली संघम विरुद्ध के. सुरेश रेड्डी(9 (2003) 7 एस.एस.सी. 667:[2003] 2 एस.सी.आर. 698) हातूंत कायद्याच्या अधिकारा बगर केल्ली, अशें मानलें. कलम 50 ब (4) हातूंतले तरतुदींत वैधानीक प्राधिकरणाक खंयच्याय वेळार स्वेच्छा दखल पुनरिक्षण अधिकार वापरपाचो अधिकार दिला. न्यायालयान अशें म्हणलां:

"9. ... कायद्याचें कलम-50-ब चें उपकलम (4) हातूंत 'खंयच्याय वेळार' ह्या उतरांचो वापर फकत विशिश्ट मर्यादेचो काळ थारायिल्लो ना अशें दाखयता जातूंत स्वेच्छा दखल अधिकार जोखूंक शकता वा एके विशिश्ट तारखे सावन सल्लो आनी संदर्भान करूं येता. स्वेच्छा दखल अधिकाराचो वापर करप हें दर एका प्रकरणांतल्या तथ्यांचेर आनी परिस्थितीचेर निंबून आसतलें. फटींगपणाच्या प्रकरणांनी, फटींगपणाचो सोद लागिल्ल्या वा सोदून काडिल्ल्या दिसा सावन योग्य वेळा भितर ह्या अधिकाराचो वापर करूं येता. अशे तरेचो अधिकार वापरतना, बरोच काळ गेल्ल्यान स्थावर मालमत्तेंतल्या तिसऱ्या पक्षाच्या हक्कांचेर जावपी परिणाम, उपरांतच्या बदल्यां वरवीं हस्तांतरीत करप, हेर कायद्यांतले तरतुदी खाला निमणेपण मेळोवपाचे आदेश (जशें की, जमीन मर्यादा अधिनेम) हे सारकिल्ले साबार घटक मतींत दवरप गरजेचें आसा. कायद्याचें कलम 50-ब चें उपकलम (4) हातूंत 'खंयच्याय वेळार' ह्या उतरांचो वापर अक्षराच्या क्रमान बारीकसाणेन वाचूंक मेळना. तो वाचूंक जाय आनी संदर्भा प्रमाणें आनी तर्कसंगत रितीन ताचो अर्थ लावंक जाय. जर एकाद्र्याक 'खंयच्याय वेळार' ह्या उतरांच्या शब्दकोशांतल्या अर्थाच्या आदारान फकत फुडें वच्चें पडलें, जाल्यार कायद्याच्या कलम 50-ब च्या उपकलम (4) खाला स्वेच्छा दखल अधिकारांचो वापर साबार दशकां उपरांतूय करूं येता आनी मागीर ताका लागून असंगत स्थिती निर्माण जावन अनिश्चितताय आनी गुंतागुंत निर्माण जावन पक्षांच्या हक्कांचेर गंभीरपणान परिणाम जातलो, तेंय अचल मालमत्तेचेर. संमत केल्ल्या आदेशांक लागून मेळिल्ल्या पक्षांचें निमणेपण आनी निश्चीतताय मेळोवपी आदेशांक पावित्र्य आसपाक

*जाय. 'खंयच्याय वेळार' स्वेच्छा दखल शक्तीचो वापर करप म्हणल्यार दीस, म्हयने वा वर्सां ह्या सारकिल्ल्या खंयच्याय काळाची गणना विशिश्ट तारखे सावन करिनात. पूण हाचो अर्थ असो न्हय की, 'खंयच्याय वेळार' हो अमार्गदर्शक आनी मनमानी आसूंक जाय. ह्या मतान, मर्यादेचो थारायिल्लो काळ नासतनाय दरेक प्रकरणांतली वस्तुस्थिती आनी परिस्थिती हांचेर आदारून 'खंयच्याय वेळार' हें फावो त्या काळा भितर अशें समजून घेवंक जाय."*

वयर दिल्ल्या निवाड्याक *आंध्र प्रदेश राज्य विरुद्ध टी. यदागिरी रेड्डी* (10 (2008)16 एस.एस.सी. 299:[2008]16 एस.सी.आर. 792) आनी *सुलोचना चंद्रकांत गलांडे विरुद्ध पुणे नगरपालिका येरादारी* (11(2010)8 एस.सी.सी. 467: [2010]9 एस.सी.आर. 476) ह्या प्रकरणांनी पाळो दिला.

23. वयर दिल्ल्या गजालींचो विचार करून, सोसायटीचो युक्तीवाद (म्हणल्यार दिवाणी अर्ज क्रमांक 5328-29/2016 हातूंत अपीलकर्तो) पात्र आसा अशें मानतात. न्यायालयांनी ताचे बाजून दिल्ल्या निवाड्या वयल्यान अशें स्पश्ट दिसता की, सोसायटीचे मालकेची 1.4 हॅक्टर जमीन, जिचें रुपांतरण (शेतकी ते बिगर शेतकी वापरांत) मंजूर केल्लें, ती जमीन बुडिल्ल्या वाठारांत येता ह्या कारणाक लागून रद्द करपाची मागणी केल्ली अशें स्पश्टपणान दिसता. हाचे पयलींच्या खटल्याचो इतिहास – जाचेर एन.जी.टी. न ताबो घेतिल्लो – सोसायटीच्या मालकेच्या खसरा क्रमांक 1248 चो भाग तयार करपी जमीन, थेट एका खटल्यांत

आशिल्ली जातूंत राज्य पक्ष आशिल्ले, आनी तातूंत तो हारलो, हें स्पश्ट जाता. त्या आदेशाक सगळ्या न्यायालयांनी मान्यताय दिली. एन.जी.टी.क जेन्ना हे वस्तुस्थितीची जाणीव करून दिली, तेन्ना तांणी ताचे कडेन आडनदर करप पसंत केलें. पुनरावलोकना बगर, वा खंयचेय ज्ञात प्रक्रिये बगर, जाचे वरवीं त्याच तथ्यां संबंदीचो हुकूमनामो परतून उक्तो करूं येता, एन.जी.टी. सोसायटीच्या अशा वादांक न्हयकारूंक शकना. ताका लागून सोसायटीचे अपील मान्य जावप गरजेचें आसा.

24. हेर अपिलां विशीं, न्यायालय सांगता की, एन.जी.टी. न उदरगत/ मास्टर प्लॅनाचें अस्तित्व वा पाचवो वाठार आनी ज्या रस्त्या उपरांत भूंयखंड विकसीत करपाची मागणी केल्ली, अशा खंयच्याच तथ्यांक विरोध केलो ना, जेन्ना तें पुनरिक्षण कार्यवाहींत स्पश्टपणान तांचे नदरेक हाडून दिल्लें. ते भायर, दुसरो आदेश दिल्या उपरांत महसूल अधिकाऱ्यांनी केल्ले चवकशेक लागून आतां जिल्लोधिकारी आनी परिशद हांचे मदीं जागृताय जाल्या की, ज्या नकाशाचेर एन.जी.टी.न आपलो मुखेल आदेश आदारला, तो नकासो फकत प्रस्ताव आशिल्लो, निमाणो नकासो न्हय, हे वस्तुस्थितीचेंय न्यायालया मुखार मुल्यमापन केलां. तशेंच, एक नवो खटलो (मूळ अर्ज क्रमांक 70/2022) लेगीत प्रलंबीत आसा. हे परिस्थितींत, हेर अपिलांकूय परवानगी दिवप योग्य थारतलें आनी एन.जी.टी. मूळ अर्ज क्रमांक 70/2022 हातूंत नव्यान ह्या विशयाचेर विचार करता आनी तालाबाच्यो नेमक्यो शिमो योग्य तरेन स्थापन केल्ले समिती वरवीं निश्चीत जाता हाची खात्री करता.

25. वयर दिल्ल्या गजालींचो विचार करून सकयल दिल्ले निर्देश जारी केल्यात:

(अ) दिवाणी अपील क्रमांक 5328-29/2016 हाका परवानगी आसा. सोसायटीन विकत घेतिल्ले जमनी संबंदीचे सोसायटीचे हक्क, मालकी आनी हीत, जाचे खातीर बांदकामाची परवानगी मेळ्ळी आनी जाचे संबंदांत मंदसौर हांगाच्या दिवाणी न्यायाधीश पयलो वर्ग, हांणी सी. एस. क्रमांक 524 ए/88 तारीख 24.12.1994 हातूंत आदेश दिल्लो, जाची निमाणें मध्य प्रदेश उच्च न्यायालयान एस. ए. क्रमांक 415/2001 हातूंत पुश्टी केली आणिक कसलोच बदल करपाचो ना अशे मानले

(ब) हेर सगल्या अपिलांक एन.जी.टी. समितीच्या अहवालाचो विचार केल्या उपरांत, तालाबाच्या नेमक्या शिमांच्या प्रस्नाचेर, प्रलंबीत कार्यवाहींत, म्हणजे मूळ अर्ज क्रमांक 70/2022 हातूंत विचार करतली, ह्या निर्देशा सयत परवानगी आसा. हे कार्यवाहींत अपीलकर्त्यांक एन.जी.टी. मुखार वयर दिल्ले कार्यवाहींत स्वताक गुंतोवपाचें स्वातंत्र्य आसा, जो अंतीम आदेश दिवपा पयलीं तांची सुनावणी करतलो आनी तांच्या निवेदनांचेर विचार करतलो.

(क) वयल्या (ब) हातूंत उल्लेख केल्ले समितींत नामांकीत केल्ले सक्षम अधिकारी आसतले :-

(i) महसूल खात्यांतलो जिल्लोधिकारी;

(ii) मुखेल अधिकारी/सीईओ/अध्यक्ष टी.सी.डी.;

(iii) परिशदेचो चॅरमॅन/अध्यक्ष; आनी

(iv) प्रधान सचिवान नेमलेल्या केल्ल्या उदकां स्रोत खात्याच्या सक्षम अधिकाऱ्या कडल्यान.

(ड) संबंदीत निर्देशीत अधिकाऱ्यांनी नेमिल्ले वयर दिल्ले अधिकारी त्या वाठाराची पळोवणी करतले आनी नोंदीचोय विचार करतले. नोंदीची तपासणी आनी निरिक्षणाच्या आदारान ते एन.जी.टी.क अहवाल सादर करतले; अशा अहवालाच्यो प्रती सगळ्या पक्षांक उपलब्ध करून दितले. ते उपरांत एन.जी.टी. निमाणो आदेश दितना, सगल्या पक्षांचें म्हणणें आयकून घेतलो आनी तांच्या निवेदनांचेर विचार करतलो.

26. अपिलांक परवानगी आसा, आनी प्रलंबीत अर्ज, आसल्यार, वयर दिल्ल्या अटींत, खर्चाचेर आदेश दिनासतना निकालांत काडटात.

*दिव्या पांडे* *अपिलांक मान्यताय दिल्या.*

*(सहाय्यक : शेवाली मोंगा, एल.सी.आर.ए)*

**अस्विकरण**

ह्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी भाशेंतल्या ह्या अणकाराचो वापर हो पक्षकाराक ताचे/तिचे मायभाशेंत ताचो अर्थ समजून घेवपा पुरतोच मर्यादीत आसतलो आनी ताचो हेर खंयच्याच कारणा खातीर वापर करूंक मेळचो ना, तशेंच इंग्लीश भाशेंतलो न्यायनिर्णय होच सगळ्या वेव्हारीक आनी कार्यालयीन वापरा खातीर विश्वासनीय आसतलो आनी तोच तातूंतल्या आदेशाच्या कार्यान्वयन आनी अंमलबजावणे खातीर वैध मानतले.

**TRANSLATED BY DIRECTORATE OF OFFICIAL LANGUAGE, PANAJI, GOA**